आकाशवाणी पणजी

राष्ट्रीय खबरो

Date : 16/01/2026 6.30 PM

आत्मनिर्भर भारत उबारपाक स्टार्टअपांची म्हत्वाची भुमिका आसा अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलें. नवी दिल्लीच्या भारत मंडपांत आयज राष्ट्रीय स्टार्टअप दिसा निमतान आयोजीत केल्ल्या कार्यावळींत ते उलयताले.

मजगती फाटल्या दशकांत भारताच्या स्टार्टअप पर्यावरण यंत्रणन इतिहासीक पावन्डो हुपला जो नवनिर्माण, लवचीकपण आनी संवसारीक मान्यतायेच्या प्रवासाचे प्रतिबिंब आसा अशे आयज धाव्या राष्ट्रीय स्टार्टअप दिसा निमतान केंद्रीय वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी म्हणला.

2016 वर्सा ही मोहीम सुरू जाली तेन्ना फकत 400 स्टार्टअप आशिल्ले, आतां तो आंकडो दोन लाखां मेरेन वाडला.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फाल्यां सावन आसाम आनी अस्तंत बंगालच्या दोन दिसांच्या भोंवडेर वतले. भेटीच्या पयल्या दिसा ते बोडो समाजाच्या गिरेस्त दायजाची परब मनवपी बागुरुम्बा ड्व्होऊ ह्या सांस्कृतीक कार्यावळींत वांटो घेतले '

आयतारा प्रधानमंत्री 6हजार 950 कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या काजीरंगा एलिव्हेटेड कॉरिडोर प्रकल्पाचो बुन्यादि फातर बसयतले. गुवाहाटी (कामाख्या)-रोहतक आनी डिब्रुगड-लखनौ (गोमती नगर) हांचे मदीं दोन नव्या अमृत भारत एक्सप्रेस गाडयांक ते पाचवो बावतो दाखय्तले . ह्या नव्या रेल्वे सेवांक लागून ईशान्य आनी उत्तर भारता मदीं संपर्क घटमूट जातलो आनी लोकांक सुरक्षीत आनी सोयीस्कर प्रवास करपाक मेळटलो.

फाटल्या दोन दशकांत भारत आनी जपान सबंद अर्थीक मळा भायर वचून एक व्यापक आनी रणनिती भागीदारींत रूपांतरित जाल्यात अशें विदेश मंत्री डॉ.s जयशंकर हाणी म्हणाला . आयज नवी दिल्लींत जपानचे विदेश मंत्री तोशिमित्सु मोटेगी वांगडा तांणी उलोवपा केलें.

नुस्तेमारी, पशुपालन आनी दुग्ध मंत्री राजीव रंजन सिंग हाणी इझ्राएल भेतेवेळार दुसरे जागतीक दर्यां खाद्य सुरक्षा परिशदेंत वांटो घेतळो . ह्यावेळार ताणी नुस्तेमारी मळार देशाच्या कामगिरीचेर भर दिलो आनी संवसारीक नुस्तेमारी घटमूट करपाक भारताचे भुमिकेंचेर उजवाड घालो . भारत आनी इझ्राएल हांचे मदले नुस्तेमारी मळार संबंद आनीक घटमूट करपा खातीर ही भेट म्हत्वाची आसा अशें मंत्रालयान सांगलें..

संसदेच्या आगामी अर्थसंकल्पीय अधिवेशनांत सरकार ‘बीज कायदो 2026’ सुरू करतलें अशी म्हायती कृशी आनी शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी दिली

ह्या कायद्याचो हेत बनावट आनी अनधिकृत बियाणांची विक्री आडावप आनी शेतकारांक उच्च दर्जाचे प्रमाणीत बियो मेळप सुनिश्चीत करप, हो आसा.

मकर संक्रांती हो शेतकारांचो उत्सव आनी एके तरेन तांचें नवें वर्स ह्याच दिसा सुरू जाता अशें घरमंत्री अमित शाहा हाणी आयज नवी दिल्लींत जाल्ल्या तिसऱ्या आंतरराष्ट्रीय पतंग महोत्सवांत सांगले . देशांतले लोक दर ऋतूत उत्सव मनयतात ह्या उत्सवांतल्यान पुराय समाज एकठांय येवन सामुहीक नदर दवरून मुखार वता अशें ताणी मुखार सांगले. उत्तरायण हो हे परंपरेचो एक भाग.

मुंबय नगरपालिका- वेंचणुकेंत भाजपा-शिवसेना युती जैताचे दिकेन मुखार वता. 119 जाग्यांचेर युती फुडें आसा. भाजपा 88 जाग्यांचेर आनी शिवसेना 31 जाग्यांचेर फुडें आसा. शिवसेना-यूबीटी 64 जाग्यांनी फुडें जाल्यार महाराष्ट्र नवनिर्मण सेना फक्त 6 जाग्यांनी फुडें आसा.ठाणे नगरपालिकेंत शिवसेनाक 24 सुवाती मेळोवन व्हड जैत मेळयलें मजगती भारतीय जनता पक्षान थळाव्या संस्थांच्या वेंचणुकेंत मेळिल्ल्या जैता खातीर महाराष्ट्रांतल्या लोकांचे उपकार मानल्यात. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणाखाल भाजपा आनी एनडीएची लोकप्रियता सतत वाडत आसा अशे नवी दिल्लींत प्रसार माध्यमांक संबोधीत करतना पक्षाचे प्रवक्ते डॉ. सुधांशू त्रिवेदी म्हणाल.

भारतिय हवामान खात्यान आयज दिल्ली, हरियाणा, चंडीगढ, पंजाब, उत्तराखंड आनी उत्तर प्रदेशांत खूब दाट धुकें पडपाची शिटकावणी दिल्या. तशेंच फुडल दोन दिस हिमाचल प्रदेश, आसाम, मेघालय, बिहार, हिमाचल प्रदेश, जम्मू-काश्मीर, लद्दाख, अस्तंत बंगाल आनी सिक्किम तल्या कांय वाठारांनी दाट धुकें पडपाचो अदमास आयएमडीन उक्तायला.

बायलां प्रिमियर लीग क्रिकेट सर्तीत आयज सांज नवी मुंबयच्या डॉ डी. वाय. पाटील स्पोर्ट्स अकादमीत गुजरात जायंट्स आनी रॉयल चॅलेंजर्स बंगळुरू पांगडामंदी खेळ जातलो .

इतल्यान ह्या राष्ट्रीय खबरो सोपल्या. आमचे मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकुक मेळटले फाल्या सकाळी आठ जावण चाळीस मिंनटाचेर -